17th Sept 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी.

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मध्य प्रदेशात, 'स्वस्थ नारी - सशक्त परिवार' आनी राष्ट्रीय पोषण माह अभियानाचों भुभारंभ करतले.
- अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी प्रधानमंत्री मोदी हांकां, वाडदिसाचीं परबीं दिलीं. भारत-अमेरिका व्यापक जागतीक, रणनिती भागीदारी नव्या उंचायेर व्हरपा खातीर भारत कटिबद्ध आसा, अशे प्रधानमंत्र्यांनी म्हळें.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लीत, पंदरा उदरगत कार्यांचें उक्तावण करतले.
- जपानांतल्या टोकियोत, आयज जावपी संवसारीक एथलेटिक्स चॅम्पियनशिप 2025च्या पात्रताय फेरयेंत, भारतीय स्टार नीरज चोपडा, खिताब राखपाखातीर सर्त करतलो.

PM MP – 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज मध्य प्रदेशाक भेट दितले. ते धारांत स्वस्थ नारी सशक्त परिवार आनी आठवें राष्ट्रीय पोषण माह अभियान सुरू करतले. आयज सावन फुडल्या म्हयन्याच्या 2 तारखे मेरेन देशभरांतल्या आयुष्मान आरोग्य मंदिरां, सामुदायिक भलायकी केंद्रां, जिल्लो हॉस्पिटल आनी हेर सरकारी भलायकी केंद्रांनी ही मोहीम आयोजीत करतले. मोदी ह्या निमतान हेर कितल्याशाच उपक्रमांचीय सुरवात करतले आनी बुन्यादी फातर घालतले आनी मेळाव्याक संबोधन करतले. प्रधानमंत्री आपल्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री मातृ वंदना येवजणे खाला निधी थेट देशभरांतल्या पात्र बायलांच्या बँक खात्यांत हस्तांतरीत करतले. आवय आनी भुरग्यांचे भलायके विशीं जागृताय करपा खातीर मोदी सुमन सखी चॅटबॉट सुरू करतले. सिकल सेल ॲनीमिया आड देशाची सामुहीक लढत मुखार

व्हरतना प्रधानमंत्री राज्या खातीर एक कोटी सिकल सेल तपासणी आनी समुपदेशन कार्डां वांटतले.

पीएम ट्रम्प - 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचे कडेन फोनावेल्यान संवाद सादलो. ट्रम्प हांणी प्रधानमंत्री मोदी हांकां, वाडदिसाचीं परबीं दिलीं. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, प्रधानमंत्र्यांनी भारत-अमेरिका व्यापक जागतीक रणनिती भागीदारी नव्या उंचायेर व्हरपा खातीर, ट्रम्प हांचे वांगडा आपली वचनबद्धताय उक्तायली. राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी, रशिया-युक्रेन झुज सोंपवपा खातीर प्रधानमंत्री मोदी हांणी दिल्ल्या आदाराचे, उपकार मानले.

गृहमंत्री अमित - 90

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज दनपारां नवी दिल्लीच्या, थ्यागराज स्टेडियमांत, पंदरा उदरगत कार्यांचें उक्तावण करपाचे आसात. हातूंत हॉस्पिटल ब्लॉक, 101 आयुष्मान आरोग्य मंदिर, 150 डायलिसीस केंद्रां, पुलीस कामांखातीर 75 ड्रोन, आनी दोन कोयर-उर्जा प्लांटांचे बुन्यादी फातर आनी साबार प्रकल्पनाचो हातूंत आस्पाव जाता. ह्या उदरगत प्रकल्पांची सुरवात दिल्ली सरकाराच्या, 15 दिसांच्या ‘सेवा पखवाडा’ मोहिमेक लागून जाता, जी आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 75व्या वाडदिसाच्या निमतान घडोवन हाडल्या. आयच्यान सुरू जाल्ली ही मोहीम, महात्मा गांधी आनी लालबहादुर शास्त्री हांच्या जल्मदीस 2 ऑक्टोबर मेरेन चालू उरतली.

Amit Shah – 70

वर्स 2047 मेरेन, विकसीत आनी सुरक्षीत भारताचें सपन साकार करपाखातीर, आमच्या तरणाट्यांची घुवळी वखदां सावान, राखण करप, खूब गरजेचे आसा, अशें घरमंत्री अमित शाहा हाणी स्पश्ट केलें. नवी दिल्लींत काल राज्य आनी संघराज्यांच्या घुवळी वखदां विरोधी कार्यदळांच्या, दुसऱ्या राष्ट्रीय परिशदेंत ते उलयताले. ड्रग्सा आड व्यापक मोहीम चालीक लावपाचो उलो तांणी मारलो. ड्रग्सा आड कारवाय आनी लोक जागृताय करपाच्या गरजेचेर भर दितना ताणी सांगले, कि

(Byte – Amit Shah)

Vinay Mohan Kwatra – 40

अमेरिकेंतले भारतीय राजदूत विनय मोहन क्वात्रा हांणी, भारतीय अंतराळ संशोधन संघटना (इसरो) आनी अमेरिकेची अंतराळ एजन्सी (नासा) मदीं आशिलल्या, अंतरिक्ष भागीदारीचेर भर दिलो. दोनूय देशांच्या सहकार्यचेर अंतरिक्ष मळावेल्या म्हत्वाविशी ताणी सांगले, कि,

( Byte - Vinay Mohan Kwatra)

PM Denmark – 65

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल डेन्मार्काचे प्रधानमंत्री मेट्टे फ्रेडरिकसन हांचे कडेन फोनाचेर उलयले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, दोनूय देशांनी ग्रीन स्ट्रॅटेजिक पार्टनरशिप घटमूट करपाची आनी भारत-इयु मुक्त वेपार करार बेगीनांत बेगीन करपाची आपली वचनबद्धताय परतून सांगल्या. युक्रेन संघर्श बेगीनांत बेगीन सोंपवप हें दोनूय देशांच्या परस्पर हितांत आसा अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. तशेंच युरोपियन युनियन काउन्सिलाचे अध्यक्षपद मेळिल्ल्या खातीर प्रधानमंत्र्यान डेन्मार्काक परबीं दिली.

Swachchta Hi Seva – 60

आयज सावन 'स्वच्छता ही सेवा' मोहीम चालिक लायतले. ही मोहीम अंदूं स्वच्छतोत्सव म्हणून मनयतले, अशी म्हायती केंद्रीय शार उदरगत मंत्री मनोहर लाल हांणी नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत दिली. हे मोहिमेवरवी देशभर व्हड प्रमाणांत नितळसाण मोहीम आनी श्रमदान जातले. 25 सप्टेंबराक पंडित दीनदयाल उपाध्याय हांच्या जल्मदिसा निमतान एक दीस, एक साथ, एक तास श्रमदान, ही देशव्यापी कार्यावळ चालीक लायतले.

**BREAK**

Eminent Personalities - 20

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो आयज 75वो वाडदिस. काय नामनेच्या व्यक्तींनी, प्रधानमंत्र्यांच्या आयजमेरेनच्या, असामान्य जीवन प्रवासाविशी विचार उक्तायल्यात, ते आयकूया.

( Byte - Eminent Personalities)

GST - 40

ह्या स्वातंत्र्य दिसा लाल किल्ल्याच्या तटबंदीवेल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांची घोशणा केल्ली. जीएसटी परिषदेन नागरिकांचे जिवीत सोंपें करपा खातीर, जायत्या क्षेत्रांनी कराचे दर उणे केल्यात. आता शेती मळवेल्या सुदारणांविशी आयकुयात.

(Byte – Nitika GST)

एथलेटिक्स - 60

जपानांतल्या टोकियो शारांत, आयज जावपी संवसारीक एथलेटिक्स चॅम्पियनशिप 2025च्या पात्रताय फेरयेंत, भारतीय स्टार नीरज चोपडा, खिताब राखपाखातीर सर्त करतलो. भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 3 जावन 40 मिनिटांचेर ही सर्त सुरू जावपाची आसा.

बायलां क्रिकेट - 60

बायलांच्या क्रिकेटांत, आयज चंडीगढांत ऑस्ट्रेलिये आड जावपी, तीन एक दिसाच्या खेळा माळेंतल्या दुसऱ्या मॅचींत, भारत ह्या सर्तींत परतून येवपाचे यत्न करतलो. मॅच दनपारां 1:30 वरांचेर सुरू जातली.

IMD – 90

भारतीय हवामान खात्यान आयज मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा, कोंकण आनी गोंय, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगणा, आसाम आनी अरुणाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनीय दीसभर हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज मध्य प्रदेशात, 'स्वस्थ नारी - सशक्त परिवार' आनी राष्ट्रीय पोषण माह अभियानाचों भुभारंभ करतले.

- अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी प्रधानमंत्री मोदी हांकां, वाडदिसाचीं परबीं दिलीं. भारत-अमेरिका व्यापक जागतीक, रणनिती भागीदारी नव्या उंचायेर व्हरपा खातीर भारत कटिबद्ध आसा, अशे प्रधानमंत्र्यांनी म्हळें.

- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लीत, पंदरा उदरगत कार्यांचें उक्तावण करतले.

- जपानांतल्या टोकियोत, आयज जावपी संवसारीक एथलेटिक्स चॅम्पियनशिप 2025च्या पात्रताय फेरयेंत, भारतीय स्टार नीरज चोपडा, खिताब राखपाखातीर सर्त करतलो.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार